आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :29 /03/2025 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

उच्च न्यायालयाच्या शीक्षणीक नेमाप्रमाण 2025-26 चें शिक्षणीक वर्स 7 एप्रीलाक सुरू जातलें अशी म्हायती शिक्षण खात्याचे संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दील्या.

गोंयचे राज्यपाल श्री पी.एस.श्रीधरन पिल्लई आनी मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी संवसार पाडव्या निमतान गोंयकारांक उरबेभरीत परबीं दिल्यांत.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींत देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले.

छत्रपती संभाजी म्हाराजाच्या कार्याची देख आयच्या तरणाट्यांनी घेवन मुखार वचपाचो यत्न करचो अशे आदले सभापती राजेंद्र आर्लेकार हाणें म्हळा

--------------

उच्च न्यायालयान शीक्षणीक नेमाप्रमाण शिक्षणीक वर्स सुरू करु शकतात असो निवाडो दिल्या उपरांत यत्ता सव्वी ते धावी आनी बारावी मेरेनच्या वर्गां खातीर 2025-26 चें शिक्षणीक वर्स 7 एप्रीलाक सुरू जातलें अशी म्हायती शिक्षण खात्याचे संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दील्या. मे म्हयनो पुराय सुटी आसतली जाल्यार यत्ता पयली ते पांचवी आनी इकरावेचे वर्ग जून म्हयन्यांत सुरू जातले अशे झींगडे हांणी म्हळा. तशेंच 1 एप्रिल 2025 सावन एससीईआरटी ही स्वायत्त संस्था जातली अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी जाहीर केलां. मजगती एप्रिलांत शिक्षणिक वर्स सुरु करपा खातीर राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशदकडे (एससीइआरटी) 4 हजार परस चड हरकतीं आयिल्ल्यो. एससीइआरटीच्या स्टिरींग कमिटीन सगळ्या हरकत पत्रांची चाचपणी केले उपरांतच 7 एप्रिलांक शाळा सुरु करपाचो निर्णय घेतलां, अशें एससीइआरटीची संचालक मेघना

शेटगांवकार हांणी सांगलें. एप्रिलाचे 7 वेर नवें शिक्षणीक वर्स सुरू करपा खातीर शिक्षण खात्यान शुक्रारा परिपत्रक काडले उपरांत नवें शिक्षणीक वर्साची रुपरेषा कशी आसतली हाची एकंदरीत म्हायती दिवपा खातीर एससीइआरटीन आयज पत्रकार परिशद घेतिल्ली. ह्या वेळार शिक्षक संचालक शैलेश झिंगडे, एससीइआरटीची संचालक मेघना शेटगांवकार, गोंय शालांत मंडळाचे संचालक भागीरथ शेट्ये आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्लें.

गोंयचे राज्यपाल श्री पी.एस.श्रीधरन पिल्लई हांणी संवसार पाडव्या निमतान गोंयकारांक उरबेभरीत परबीं दिल्यांत.

आपल्या संदेशांत राज्यपाल म्हणटा, ह्या शुभ दिसा पारंपारीक नव्या वर्साची सुरवात जाता. संवसार पाडवो आमच्या देशांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी आनी प्रदेशांनी वेगवेगळ्या तरेन आनी वेगवेगळ्या विधींनी व्हड खोशेन मनयतात आनी ताका उगाडी, युगादी ,घुडी पाडवो ,छटीचंद अश्या वेगवेगळ्या नांवांनी वळखतात. ह्या शुभ प्रसंगाचेर लोक आपल्या भावनीक, समाजीक आनी आध्यात्मिक मुल्यांचेर चिंतन करतात . संवसार पाडव्याची परब सगळ्यांक जीवितात अफाट खोस आनी समृध्दी हाडूं अशें राज्यपालानी आपणे संदेशात म्हळा .

संवसार पाडव्या निमतान मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत समेस्त गोंयकारांक सुख, समृध्दी, बरी भलायकी, आनी नवी संद मेळचे खातीर परबी दिल्ल्यात . “चैत्र महिन्याचो पयलो दिस म्हळयार संवसार पाडवो ह्या दिसा हिंदूच्या नव्या वर्षाची सुरुवात जाता ‘घुडी ’ हे एक सुंदर सजावटीचे प्रतीक आसा जे फुला आनी आंब्याच्या पानांनी सजयतात आनी ते विजय, समृद्धी आणि नव्या सुरुवातीचे प्रतिनिधित्व करता जाल्यार ‘पाडवों ’ चंद्राच्या पयल्या दिवसाचे प्रतीक आसा अशे मुखेलमंत्रयनी आपल्या आहे.” संदेशांत म्हळा . आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंयाच्या ध्येया प्रमाण हो उत्सव आसा हाचेर ताणी भर दिलो. दरेका गोंयकारान आत्मनिर्भरताय, नवनिर्मण आनी सामुहीक उदरगतीची भावना आपणावपाचो उलो ताणी मारलो. ह्या पवित्र उत्सवांतल्यान प्रेरणा घेवन आमी एक समृध्द स्वयंपूर्ण गोंय तयार करपाक स्वताक समर्पित करूंया, आनी विकसीत भारताच्या दृश्टीकोनाक योगदान दिवया " अशें तांणी सांगलें.

राज्यांत येवपी मेगा प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो अधिकार हाचे फुडें नगर नियोजन खात्याच्या (टीसीपी) मुख्यमंत्र्याच्या फुडारपणा खालचे सुकाणू समिती कडेन आसतले. हे संबंदीची अधिसुचोवणी रोखडीच जारी जातली अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज एका खाजगी न्यूज चॅनलाचेर जाल्या कार्यावळींत स्पश्ट केलें. 'टीसीपी' खात्या खाला आशिल्ल्या वेगवेगळ्या समित्यांक घटमूट करप गरजेचें आशिल्लें. कांय वाठारांतले नागरिक थंयच्या नियोजीत मेगा प्रकल्पांक खर विरोध करतात. अशे स्थितींत संबंदीत वाठारांचो आनी थंयच्या नागरिकांचो विचार करुन मेगा प्रकल्पांचो विचार करप गरजेचें आसा. देखूनच मेगा प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो अधिकार टीसीपीचे मुख्यमंत्र्याच्या फुडारपणा खालचे सुकाणू समिती कडेन दिल्यात. हाचे फुडें हीच समिती सविस्तर अभ्यास करून मेगा प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो निर्णय घेतली अशेंय मुख्यमंत्र्यांनी म्हणलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींत देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या कार्यावळीचो हो 120 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, एआर न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर  मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एआर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

ओस्सय...वा.. वा.. किती आनंद झाला... च्या गजरात साखळी शिमगोत्सव समिती आनि गोंय पर्यटन खातें हांच्या  जोडपालवान  काल 28 मार्च  2025 हे  दीस शिमगोत्सव महोत्सवाचे आयोजन जालें. मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं उक्तवण केलें. .उप्रांत डेस्टिनी म्युझिक अकॅडमीन  संगीताची कार्यावळ सादर केली.  सांजवेळा 3:30 वरांचेर मुखेल शिमगोत्सवाक सुरुवात जाली .या सुवाळ्यांक  गोंय राज्याचे  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हुण हजर आसले. तांचे वांगडा सांखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी परब तशेंच साखळी मतदारसंघातले सगळे सरपंच ,उपसरपंच, पंच नगरसेवक हजर आसले. महोत्सवात वेळेचे बंधन पाळटले अशें सांगून  महोत्सवाक वेळाचेर सुरवात जाली. त्या खातीर रोमटामेळ  लोकनाच आनि चित्ररथ पंगडांनी वेळार हजर रावंक जाय कशें आयोजकानी

सांगले. अंदू वर्सा शिमगोत्सव मिरवणूक साखळी सरकारी हॉस्पिटल ते छत्रपती  शिवाजी महाराज चौक यादरम्यान जाली आनि ते खतिर- रोमटामेळ चित्ररथ आणि लोक नाच आस्वाद घेवपी लोकांखातीर खास आसन व्यवस्था केल्ली.रोमटामेळ,चित्ररथ आनी लोकनाचानी रसिकांचे मनोरंजन केलें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आज राज्यात उष्ण आणि दमट हवामानासयत सुके हवामान आसा

पणजेत सर्वाधिक 34.3 डिग्री सेल्सिअस कमाल तापमान नोंद जाला तर किमान 24.2 डिग्री सेल्सिअस तापमान नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस ३५-३७ अंश सेल्सिअस मजगत तापमान आसतले तशेच राज्यांतल्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्हयांनी गडगडपासयत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा आशे पणजी वेधशाळेन सांगला .

फाल्या संवसार पाडवो. हिंदू पंचांगाप्रमाण फाल्या नवें वर्स सुरु जाता. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळ्यार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो 'एक' शुभ म्हूर्त अशें मानतात. फाल्यासावन शालीवाहन शक १९४७ ' विश्वावसू' संवत्सर सुरू जाता. फाल्या सकाळी गुढी पूजन करून हया दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश , नवी आस्थापनां सुरु करप , नव्या प्रकल्पांची पायांभरणी करप , नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां फाल्याचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. फाल्यासावन रामांच्या तशेंच हेर देवळांनी रामनवरात्रोत्सवाच्यो कार्यावळी सुरु जातल्यो. भजन , कीर्तन , नामस्मरण अश्या कार्यावळींचो तांतूत आसपाव जाता. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात. तातूंत फाल्याचो संवसार पाडवो-एक , दसरो-एक, अक्षय्य तृतिया-एक आनी गोरवांचो पाडवो म्हळ्यार कार्तिक शुद्ध प्रतिपदा-अर्धो अशें मेळून हे साडेतीन म्हूर्त जातात.

छत्रपती संभाजी महाराजांच्या बलिदान दिसा निमतान केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हाणें आयज सकाळी वास्को शारांत उबारिल्ल्या संभाजी म्हाराजांच्या पुतळ्याक आर्गा ओपली.

ह्यावेळार उलयताना राज्यपाल आर्लेकार हाणें म्हळा, की छत्रपती संभाजी म्हाराजान स्वतःच्या धर्म रक्षणा खातीर देह सुद्धा त्यागला. आयच्या तरणाट्यांनी हांतुतल्यान देख घेवन मुखार वचपाचो यत्न करपाल जाय. आमदार दाजी साळकार, नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार आनी हेर मानेस्त ह्यावेळार हाजीर आसले.

भारतांतल्या ग्रामीण कामगारां खातीर म्हत्वाचें पावल उबारून ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान 27 मार्चाक जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण, महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो म्हळ्यार मनरेगा खाला पगारांत सुदारणा करपाची घोशणा केली. 1 एप्रील सावन सुदारीत दर लागू जातले. केंद्र सरकारान अधिसुचोवणी दिल्ल्या प्रमाण, गोंय राज्या खातीर महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी येवजणे खाला दिसपट्टो पगार 378 रुपया आसतलो. केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या आदल्या अधिसुचोवणेंत हे संबंदी दुरुस्ती केल्या. मजगतीं, केंद्र सरकाराचे 'मनरेगा' येवजणे खाला राज्यांत सुमार 8 हजार कामगार काम करतात. तांकां सगळ्यांक हाचो लाव जातलो.

पणजेंतल्या पशुपालन आनी पशुवैजकी खातें राष्ट्रीय पशुरोग नियंत्रण कार्यावळीखाला 1 एप्रील सावन जनावरांच्या पांय आनी तोंडाच्या दुयेंसां आड लस दिवपाची कार्यावळ सुरू करतले. ही कार्यावळ 30 दीस चलतली.ह्या कार्यावळी खाला सगळ्या गोरवांक लस दिवपाचे सगळे यत्न करतले आनी लस दिवचे पयलीं आनी उपरांत सीराचे नमुने घेवन जनावरांची रोगप्रतिकार शक्त तपासतले. मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण लस दिल्ल्या जनावरांची वळख करपा खातीर कानांत टॅग लावाप सक्तीचे आसातले अशी म्हायती पशुवैजकी खात्यान दिला .

नमस्कार